**Aakashwani Panaji National News 8.40 am 9/1/2025**

**भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी अठराव्या प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनाचें औपचारीक उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री मोदी काल सांजवेळा भुवनेश्वरांत पावले. विमानतळार ओडिशाचे राज्यपाल हरी बाबू कम्भंपति, मुखेलमंत्री मोहन चरण माझी, केंद्रीय मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी तांकां येवकार दिलो. भारत सरकारान ओडिशा सरकाराच्या सहकार्यान आयोजीत केल्लें 18वें प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशन 8 ते 10 जानेवारी मेरेन भुवनेश्वरांत जाता.ह्या कार्यावळींतल्यान भारतीय प्रवासी वांगड्यांक एकामेकां कडेन संपर्क सादपाक आनी संबंदीत जावपाक एक मंच मेळटा. "विकसित भारतांत डायस्पोराचें योगदान" ह्या विशयाचेर केंद्रीत आशिल्ल्या ह्या अधिवेशनाक हाजीर रावपा खातीर 50 वयर देशांतल्या प्रतिनिधींनी नोंदणी केल्या. फाल्यां अधिवेशनाच्या समारोप सुवाळ्याक वांटो घेवपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सांजवेळा भुवनेश्वरांत पावतल्यो . तशेंच भारतीय प्रवासी वांगड्यांक प्रवासी भारतीय सम्मान दितले आनी तांणी वेगवेगळ्या मळार केल्ल्या कामगिरीची वळख करून दितले.आकाशवाणी दिल्ली आयज उक्तावण कार्यावळीची ऑफ ट्यूब कमेंट्री प्रसारीत करतली. 'इंद्रप्रस्थ', 'एफएम गोल्ड' आनी 'आकाशवाणी लायव्ह न्यूज 24x7' सकाळीं 9:55 वरांचेर आयकूंक मेळटा. आकाशवाणीच्या 'आकाशवाणी एअर' ह्या Youtube चॅनलाचेरूय हें प्रसारण लायव्ह प्रसारीत जातलें.**

---

---

**आंध्र प्रदेशांत 10 ते 12 जानेवारी मेरेन चलतल्या वैकुंठ एकादसी दर्शना खातीर, काल सांजे, तिरुपतीच्या टोकन जारी करपी काउंटराचेर, चेंगराचेंगरी जावन ६ जाणांक मरण आयलें. जखमी जाल्ल्यान, सुमार 40 जाणांक हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात. ही घडणूक तिरुपाती शारांत घडल्या आनी तिरुमळाच्या, दोंगरा माथ्यार**

जंय देवूळ आसा थंय जावंक ना. वैकुंठ एकादशी दर्शनाक भक्तांक शुभ मानतात आनी तिरुमाला तिरुपति देवस्थानान (टीटीडी) तिरुपतींतल्या, तीन वेगवेगळ्या सुवातींनी 1 लाख 20 हजार टोकन जारी करपा खातीर, 94 काउंटर घातल्यात. रामनायडू शाळे लागसार स्थापन केल्ल्या टोकन जारी करपी काउंटराचेर, ही चेंगराचेंगरी जाली. मुख्यमंत्री एन चंद्रबाबू नायडू हाणी ह्या मरणांक दुख्ख उक्तायतना, जखमींक सगळ्यांत बरी वैजकी सेवा दिवपाचे निर्देश अधिकाऱ्यांक दिले. ते आयज दनपारां तिरुपतीक भेट दितले आनी परिस्थितीचो नियाळ घेतले. मजगतीं, तिरुमाला तिरुपति देवस्थानचे कार्यकारी अधिकारी हांणी चवकशी करपाचो आदेश दिला आनी दुरुस्तीचे उपाय करतले, अशें सांगलें. जखमींक म्हायती दिवपा खातीर आनी मजत करपा खातीर, नियंत्रण कक्ष आनी आपत्कालीन हेल्पलायन क्रमांक 0877-2236007 सुरु केला.

उत्तर भारतांतल्या चडशा वाठारांनी थंड ल्हारांची परिस्थिती खर जाल्या. ह्या वाठारांतलें तापमान आनीक देंवपाची शक्यताय आसा अशी शिटकावणी भारतीय हवामान खात्यान दिल्या. वायव्य भारतांतल्या कांय वाठारांनी पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा.हवामान विभागाच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन दीस हिमाचल प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, अस्तंत मध्य प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान आनी मुजफ्फराबाद ह्या वाठारांनी थंड ल्हारांची परिस्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. तशेंच पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी उत्तर प्रदेशात फाल्यां मेरेन दाट धुकें आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयज उत्तर प्रदेश आनी मध्य प्रदेशात थंड ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या 24 वरांत देशाच्या वायव्य भागांचेर उण्यांत उणें तापमान सुमार 2 अंश सेल्सियस देंवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. दाट धुकें आशिल्ल्यान पुराय उत्तर भारतांत रेल्वे आनी विमान सेवा खंडीत जाल्या. दिल्लीक वचपी सुमार 25 गाडयांचो तीन ते चार वरां मेरेन कळाव जाला. मजगतीं, दिल्लीच्या इंदिरा गांधी

आंतरराष्ट्रीय विमानतळार धुक्याक लागून सुमार 50 विमान सेवा कळाव जाल्या पूण खंयचीच विमान सेवा रद्द जाली ना.राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयच्यान मेघालय आनी ओडिशाचा दौर्यार आसतल्यो . मेघालयांतल्या उमियाम हांगा ईशान्य दोंगराळ प्रदेशा खातीर आयसीएआर   संशोधन संकुलाच्या भांगरा महोत्सवाक हाजीर रावतल्यो. फाल्यां राष्ट्रपती मुर्मू प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनाच्या समारोप सुवाळ्याचा सत्राकी हाजीर रावतलयो आनी भुवनेश्वरांत प्रवासी भारतीय सम्मान पुरस्कार भेटयतल्यो.

---

काल दुबयंत  विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी आनी अफगाणिस्तानाचे कार्यवाह विदेश वेव्हार  मंत्री मौलावी अमीर खान मुत्तकी हांणी द्विपक्षीय संबंदा संबंदीत तशेंच प्रादेशिक घडामोडीं विशीं वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर चर्चा केली.  विदेश वेव्हार मंत्रालयान , हे बसकेंत परराश्ट्र सचीवान अफगाण लोकां कडेन भारताची इतिहासीक इश्टागत आनी दोनूय देशां मदल्या घटमूट लोकां कडेन  संपर्काचेर भर दिलो. दोनूय वटांनी चालू आशिल्ल्या भारतीय मानवतावादी मजतीच्या कार्यावळींचें मुल्यांकन केलें. अफगाणिस्तानांतल्या लोकां कडेन संबंदीत आनी आदार दिवपा खातीर अफगाण मंत्रीन भारतीय फुडारपणाची  उपकार मानले. सद्या उदरगत कार्यावळींची गरज पळोवन भारत चालू आशिल्ल्या मानवतावादी मजत कार्यावळी वांगडाच फुडल्या काळांत उदरगत प्रकल्पांत वांटो घेवपाचो विचार करतलो अशें थारायलें.अफगाण लोकांच्या गरजे प्रमाण भारतान अफगाणिस्तानाक मानवतावादी मजत दिवपाचें थारायलां अशें निवेदनांत म्हणलां. भारतान आतां मेरेन 50 हजार मेट्रिक टन  गंव, 300 टन वखदां, 27 टन भूंयकांप निवारण मदत, 40 हजार लिटर कीटकनाशक, 10 कोटी पोलियो डोस, 15 लाख डोस कोवीड लस, 11 हजार युनिट नितळसाण,वखदा खातीर किट व्यसनमुक्त  कार्यावळ, गिमाच्या  दिसांनी 500 युनिट  कपडे  धाडल्यात.भारत पयल्या पांवड्यार भलायकी क्षेत्राक भौतिक आदार दितलो. अफगाणिस्तानांतल्या तरणाट्या पिळगेक खूब मोल दिवपी खेळां सहकार घटमूट करपा विशींय दोनूय वटांनी चर्चा केली. तशेंच अफगाणिस्तानाक मानवतावादी मजतीच्या उद्देशा सयत वेपार आनी वेपारी कार्यावळींक आदार दिवपाखातीर चाबहार बंदराचो वापर

करपाक प्रोत्साहन दिवपाचें मान्य जालें.अफगाण पक्षान भारताच्या सुरक्षा हुस्क्या विशीं आपली संवेदनशीलताय सांगल्या.

---

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आयज मध्य प्रदेशाचा भेटीत आसतले . मंत्री गडकरी इंदौरांत चालू आशिल्ल्या वेगवेगळ्या रस्त्या प्रकल्पांचो नियाळ घेतले. मंत्री नितीन गडकरी, इंदौर-खंडवा राष्ट्रीय म्हामार्गाच्या चार लेन तेजजी नगर बलवाडा विभागाच्या बांदकाम कामाची पळोवणी करतले. ते पिठमपूरांतल्या राष्ट्रीय मोटारी चांचणी ट्रॅक्स नेट्रॅक्साची तपासणी करतले आनी हांगा आयोजीत केल्ल्या वेगवेगळ्या कार्यावळींनी वांटो घेतले. ते BAJA SAE India 2025 सर्त सुरू करतले आनी एम बाजा आनी एच BAJA गाडयो तशेंच इंदौरांत राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणाच्या अधिकाऱ्यांची बसका घेतले आनी इंदोरात ते श्री नाथ देवळाक भेट दितले.

---

---

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी नवी दिल्लींत अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांकां मेळून, येवपी संघटनेचें अर्थसंकल्प पळोवन जायत्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. बसके उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना मंत्री चौहान हांणी , शेतकी, ग्रामीण उदरगत, भारतीय शेतकी संशोधन संस्था आनी भूंय संसाधनां सयत चार खात्याच्या अर्थसंकल्पाचेर चर्चा केल्या. हाचे आदीं शेतकार, प्रक्रिया करपाक संबंदीत आशिल्ल्या लोकां कडेन आनी फुडल्या शेतकी आनी ग्रामीण उदरगतीच्या अर्थसंकल्पा विशीं भागधारकां कडेन विस्तारान चर्चा केल्ली आनी अर्थमंत्री कडेन सगले मुद्दे सुचयले अशें मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी उक्तायलें.

---

कटरा ते श्रीनगर हांचे मदीं जम्मू श्रीनगर वंदे भारत एक्सप्रेस बेगीन सुरू जातली अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. हे गाडयेंत आठ डबे आसतले. नव्यान बांदिल्ल्या जम्मू विभागांतल्या 111 किलोमीटर लांब बनिहाल-कात्रा विभागाची निमाणी सुरक्षेची तपासणीय सुरू जाल्या आनी अंदूच्या वर्साच्या निमाणे सावन गाडयो चलोवपाची अपेक्षा आसा अशें मंत्रालयान सांगलें. जम्मू स्टेशनाचेरय 8

प्लॅटफॉर्म आनी आधुनीक सुविधा सज्ज करपा खातीर ताची पुनर्विकास सुरू आसा अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या. प्रवासी आनी मालवाहतूक गाडी मार्गाचेर गाडयो वर्सभर, दीस आनी रात चलपाची खात्री करतली. हाका लागून दोनूय प्रदेशां मदीं सगल्या हवामानाची जोडणी सुनिश्चीत जातली.

---

इंडियन सुपर लीगांत आयज चेन्नयांत, चेन्नय एफसी आनी ओडिशा आड खेळटले. सांजे 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.

---